**69 व्या राष्ट्रीय शालेय खेळां सर्तींखातीर टेबल टेनिस पंगड निवड चाचणी**

ता. 27 मार्च 2026

त्यागराज स्टेडिएम, नवी दिल्ली हांगा 16 ते 22 एप्रिल 2026 मेरेन जावपी 69 व्या राष्ट्रीय शालेय खेळां सर्तींत टेबल टेनिस खेळा प्रकारात गोंय राज्याचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर अ- 14 चले आनी चलयांचो टेबल टेनिस पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान इंडोर हॉल, कांपाल-पणजी हांगा 30 मार्च 2026 दिसा सकाळी 9.30 ते 10.30 वरा मजगती निवड चाचणी आयोजीत केल्या. ह्या निवड चाचणी खातीर संजय शिरोडकर (ZSO) हे प्रभारी अधिकारी आसात.

चाचणीत सहभागीं जावपी खेळगड्याचो जल्म 1 जानेवारी 2012 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय आनी 12 वी वा त्या सकयल्या वर्गात शिकपी आसपाक जाय, पुण 6 वी इयत्ते सकयल्या वर्गात शिकपी आसपाक फावना. निवड जाल्ल्या खेळगड्यान पात्रताय अर्जा वांगडा दोतोराचो पिराय तपासणी दाखलो जोडपाक जाय. नोंदणी वेळार शाळेचे वळखपत्र आनी खेळां वळखपत्र सादर करपाक जाय.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/211

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.